**Panaji National**
**9th November 2025 6.30pm**

**PM Uttarkhand – 110**

उत्तराखंड आज आपल्या स्थापना दिसाचो रौप्यमहोत्सव मनयता. ह्या निमतान प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी देहरादूनांतल्या रान संशोधन संस्थेंत जाल्ल्या कार्यावळींत 8,000 कोटी रुपया परस चड मोलाच्या जायत्या उदरगत प्रकल्पांचें उक्तावण केले आनी बुन्यादी फातर घालो. हे प्रकल्प साबार मुखेल क्षेत्रां कडेन संबंदीत आसात, तातूंत पिवपाचें उदक, शिंपणावळ, तंत्रीक शिक्षण, उर्जा, शार उदरगत, खेळ, आनी कुशळटाय उदरगत हांचो आस्पाव जाता. प्रधानमंत्री फसल बीमा येवजणे खाला मोदी हांणी 28 हजारां वयर शेतकारांच्या बँक खात्यांत 62 कोटी रुपया परस चड अर्थीक मजत हस्तांतरीत केली. प्रधानमंत्र्यानि हे निमतान एक स्मारक टपाल तिकिट जारी केलो. ह्या वेळार उलयतना तांणी उत्तराखंडांतल्या लोकांक राज्य स्थापनेच्या रुप्या महोत्सवा खातीर परबीं दिली. फाटल्या 25 वर्सांत उत्तराखंडांत वेगवेगळ्या क्षेत्रांत बरीच प्रगती जाल्या अशें तांणी सांगलें.

**Daman BJP – 110**

दमन, दीऊ, आनी दादरा आनी नगर हवेली हांगा जाल्ल्या थळाव्या संस्थांच्या वेंचणुकांनी भारतीय जनता पक्षान व्हड जैत मेळोवन सगळ्या मुखेल शारी आनी पंचायती संस्थांनी भोवमत मेळयलां. अधिकृत निकाला प्रमाण भाजपान दमन जिल्लो पंचायतींतले १६ पैकी १५ जागे, नगरपालिकेंतल्यो १५ पैकी १४ सुवाती, आनी १६ पैकी १५ सरपंच पदां जिखल्या. ह्या जैताक लागून ह्या वाठारांत भाजपाचें जवळजवळ पुराय वर्चस्व स्थापन जाता.

दीवात भाजपान जिल्हो पंचायतीच्यो सगळ्यो आठ सुवाती जिखल्यो. तेच प्रमाण दादरा आनी नगर हवेलींत भाजपान 26 जिल्हो पंचायतींतल्या 24 जाग्यांचेर आनी सगल्या 15 नगरपालिका परिषदच्यो सुवाती मेळोवन आपलो गढ घटमूट केलो. हो निकाल पक्षाच्या शासन मॉडेलाचेर लोकांचो वाडत आशिल्लो विस्वास दाखयता अशें भाजपाचे राष्ट्रीय प्रवक्ते गुरू प्रकाश पासवान हांणी सांगलें.

**VP Karnataka – 90**

उपराष्ट्रपती सी.पी. राधाकृष्णन हाणी भारताच्या आध्यात्मिक प्रवासात आणि वारशात जैन तत्वज्ञानाचे योगदान महत्त्वपूर्ण आशिल्ल्याचे म्हळें. ते आज कर्नाटकातल्या हसन जिल्ह्यात श्रवणबेळगोलात जैन संत आचार्य शांती सागर महाराज हांच्या स्मृतित आयोजित कार्यक्रमात उलयताले. ह्या वेळार तांणी समाजाच्या आध्यात्मिक मूल्यांक आकार दिवपी अहिंसा, संयम आणि त्याग या जैन तत्वांचे स्मरण केले. राधाकृष्णन हाणी तमिळ साहित्यांत जैन मुनी आनी विद्वानांचें योगदान अमूल्य आसा अशे म्हळें. प्राकृत ही शास्त्रीय भास म्हूण जाहीर केल्ले खातीर आनी जैन धर्मा कडेन संबंदीत सगळ्यो धर्मीक लिपी डिजिटल

करपाची मोहीम सुरू केल्ल्या खातीर राधाकृष्णन हांणी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांचे उपकार मानले.

**Chauhan – 130**

केंद्रीय कृशी आनी शेतकार कल्याण मंत्री शिवराज सिंग चौहान फाल्यां ओडिशाक भेट दितले. शेतकारांचें उत्पन्न वाडोवप, पोशण सुरक्षीतताय सुनिश्चीत करप, राज्यांतल्या नैसर्गिक शेती पद्दतींक चालना दिवप हांचे संबंदीत मुखेल कार्यावळींनी तो वांटो घेतलो. शेतकी आनी शेतकार कल्याण मंत्रालयान दिल्ल्या म्हायती प्रमाण, चौहान मंडिया दीबासा वा भरड धान्य दीस कार्यावळीच्या उक्तावण अधिवेशनांत मुखेल सोयरे म्हूण हाजीर रावपाचे आसात. राज्यभर आनी देशांतल्या हेर वाठारांनी भरड धान्यचें उत्पादन, प्रक्रिया, आनी वापराक प्रोत्साहन दिवपा खातीर केंद्रान केल्ल्या उपक्रमां विशीं ते ह्या निमतान माहिती दितले. उपरांत कृशी मंत्री कटकच्या सदर वाठाराक भेट दितले आनी शेतकारां कडेन संवाद सादतले. तशेंच आयसीएआर-सेंट्रल राइस रिसर्च इन्स्टिट्यूटांत मुखेल राष्ट्रीय शेतकी उपक्रमांची अंमलबजावणी घटमूट करपा विशीं संयुक्त रणनिती बसकेंत चौहान वांटो घेतले. मंत्रालयाच्या म्हणण्या प्रमाण चौहान हांची ही भेट ओडिशांत शाश्वत आनी आत्मनिर्भर शेती मुखार व्हरपा खातीर म्हत्वाचें पावल म्हणून पळयतात.

**India – US – 30**

अमेरिकेंतले भारतीय राजदूत विनय मोहन क्वात्रा हांणी इंटेलाचे मुख्य कार्यकारी अधिकारी लिप-बू टैन हांका मेळून इंटेलाच्या येवजण्यांचेर चर्चा केली. सरकाराच्या इंडिया सेमीकंडक्टर मिशन आनी इंडिया एआय मिशनाच्या अनुरूप भारतांत सेमीकंडक्टर आनी एआय परिचालन विस्तारा खातीर ही बसका जाल्ली.

**IMD – 20**

भारतीय हवामान खात्यान फुडल्या तीन दिसांत मध्य प्रदेश, छत्तीसगड आनी झारखंडात कुडकुडयाच्या शियाचो अदमास उक्तायला. उदेंत राजस्थानात आयज अशीच हवामानाची परिस्थिती आसतली.

**Tennis – 35**

टेनिसांत नोवाक जोकोविचान एटीपी 250 अथेन्स खिताब जिखल्या उपरांत खांद्याक दुखापत जाल्ल्यान 2025 वर्साच्या एटीपी फायनलांतल्यान आपले नाव फाटी घेतले. ह्या माघारिक लागून ताचो season सोंपलो आनी हे दुसरें वर्स तो फायनल टूरातल्यान भायर आसतलो.